Panaji Regional 19th September 2025 7.25am

CM – 70

मुखेलमंत्री तशेचं शिक्षण मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल पणजेत कला अकादेमींत जाल्ल्या कार्यावळींत पारूल विद्यापीठ ह्या राज्यांतल्या पयल्या खाजगी विद्यापीठाचे उक्तावण केलें. राज्यात आनीक दोन खाजगी विद्यापिठां खातीर मान्यताय दिल्या अशी म्हायती ह्या वेळार मुखेलमंत्र्यानि दिली. राज्यांत कॅम्पस स्थापन करपी आंतरराष्ट्रीय विद्यापिठांक सरकार उक्तें आसा अशें तांणी मुखार सांगलें. सध्या ह्या विद्यापिठांत 13 विशयांचे शिक्षण घेवपी 509 विद्यार्थी आसात, तातूंतले 75% गोंयकार आसात, आनी 70% कर्मचारी थळावे आसात अशे मुखेलमंत्र्यानि सांगले. Byte

Shripad Naik – 100

डिजिटल शिक्षणाची मुळावी बांदावळ घटमूट करपाखातीर तशेच विद्यार्थी आनी शिक्षकांक आधुनिक तंत्रज्ञानान सक्षम करपाच्या दृष्टीन ऊर्जा आणि नवीन व नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हाणी काल म्हापशेच्या जी.एस. आमोणकर विद्या मंदिरात आयोजित कार्यक्रमात खासदार स्थानिक क्षेत्र विकास येवजनेअंतर्गत (MPLADS) खरेदी केलल्या प्रिंटर, प्रोजेक्टर आणि संगणकांसारख्या माहिती आणि संप्रेषण तंत्रज्ञान (आयसीटी) साधनांचे वितरण केले.

कार्यक्रमात उलयतना श्रीपाद नाईक हाणी समग्र राष्ट्र उभारणीच्या दृष्टीन शिक्षणातल्या गुंतवणुकीचे महत्त्व अधोरेखित केले. तरुणांच्या मनात संस्कार आणि संस्कृती रुजवून समाज घडवपाक शिक्षकांची भूमिका महत्त्वपूर्ण ठरता, हाजेर तांणी भर दिलो. जी.एस. आमोणकर विद्या मंदिराचे अध्यक्ष ॲड. संजय उसगावकर, विश्वस्त सुहर्ष उसगावकर आणि डॉ. गुरुदास नाटेकर, मुख्याध्यापिका पूजा दळवी ह्या कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ली.

DIP – 50

सरकारान फार्मास्युटिकल क्षेत्रांत उत्पादन, पॅकेजींग, वितरण आनी फार्मास्युटिकल उत्पादनांची येरादारी करपी सगळ्या आस्थापनांचो गोंय अत्यावश्यक सेवा देखरेख कायदो 1988 खाला आस्पाव केला. फार्मास्युटिकल क्षेत्रांत उत्पादन, पॅकेजींग, वितरण आनी फार्मास्युटिकल उत्पादनांची येरादारी करपी आस्थापनांनी संप

केल्यार सामाजीक जीणेखातीर आवश्यक आशिल्ल्या उत्पादनांच्या वितरण आनी सेवांचेर परिणाम जावन लोकांक त्रास जातले, अशें सरकारचे मत आसा.

GST – 90

गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान नव्या माल आनी सेवा कर दरांच्या फाटभुयेर सुदारीत परामर्श जारी केल्यात. जीएसटीचे नवे दर सोमारा सावन लागू जातात. परामर्शा प्रमाण, उत्पादक, पॅकर्स आनी आयात करपी 22 सप्टेंबर पयलीं तयार केल्ल्या विकूंक नाशिल्ल्या पॅकेजींचेर सुदारीत दराचे स्टिकर लावंक शकतात, पूण पॅकेजीचेर पूर्व छापून आयिल्लो एमआरपी स्पश्टपणान दिसपाक जाय.

सुदारीत जीएसटी दरांची म्हायती विक्रेत्यांक, किरकोळ विक्रेत्यांक आनी गिरायकांक कळोवपा खातीर योग्य उपाय येवजण्यो करपाक सरकारान उत्पादक, पॅकर, आयातदारांक निर्देश दिल्यात. इलॅक्ट्रॉनीक, प्रिंट, आनी सोशल मिडिया सयत सगळ्यो संभाव्य संवाद मार्ग हे खातीर वापरूं येतात.

Weather – 85

राज्यांत  काल तुरळक स्वरुपाच्या पावसाची नोंद जाली. हवामान खात्यान आज राज्यांत मध्यम पावस पडपाची शक्यताय  उक्तायल्या आनी यलो अलर्ट जारी केला. जाल्यार 20 ते 24 सप्टेंबर ह्या काळांत किरकोळ स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय आसा. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडात चड तापमान २९ डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान २५ डिग्रीस celcius इतले आसतले. फुडले पाच दीस गोंयांत चडांत चड तापमान 30 degrees celcius जाल्यार उण्यांत उणें 24 degrees celcius आसपाची शक्यताय आसा. फाटल्या 24 वरांत गोंयांत सरासरी 1.9 मिमि पावसाची नोंद जाली.

Sports – 30

club टेनिस गास्पार डायसच्या अखिल गोय प्रमुख मानांकन टेबल टेनिस सर्तींत इकरा वारसा पिराये सक्यल्ल्या चल्याच्या एकोडी गटांत ईशान कुलासो आनी अशांक दळवी हाणी निमाने फेरयेत प्रवेश केलो.